## अखील गोंय आंतरशालेय तियात्र सर्त 2026

ता. 28 जुलय 2026

गोंय तियात्र अकादमीन मडगांवच्या रवींद्र भवनात 3 ते 12 ऑगस्ट 2026 मेरेन 4थ्या अखील गोंय आंतरशालेय तियात्र सर्त 2026 चे आयोजन केला. 3 ऑगस्ट दिसा दनपारां 3.15 वराचेर सर्तीचें उक्तावण जातले. नामनेचे दोतोर आनी शिक्षणतंज्ञ डॉ. इर्नेस्टो रॉड्रिग्स कर्यक्रमाक मुखेल सोयरे जाल्यार शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे मानाचे सोयरे आसतले. नामनेच्यो तियात्रीस्त अनिता फार्नांडिस खास निमंत्रीत आसतल्यो.

सर्तीत ता. 3 ऑगस्ट दिसा रोझरी हायस्कूल, कुजिरा- बांबोळी हांचे वतीन "दोषी कोण" तियात्र सादर करपात येतलो. ता. 4 ऑगस्ट दिसा फातिमा कॉन्वेंट हायस्कूल, मडगांव हांचे वतीन "ल्हान मुर्ती म्हान किर्ती" तियात्र सादर करपात येतलो. ता. 5 ऑगस्ट दिसा अवर लेडी ऑफ कार्मेल हायस्कूल, कुडतरी हांचे वतीन "उटाबश्यो" तियात्र सादर करपात येतलो. ता. 6 ऑगस्ट दिसा अवर लेडी ऑफ दिवाडी हायस्कूल, दिवाडी हांचे वतीन " पिसोळी " तियात्र सादर करपात येतलो. ता. 7 ऑगस्ट दिसा सेंट झेव्हियर हायस्कुल वेळ्ळी हांचे वतीन "पिकनीक" तियात्र सादर करपात येतलो आनी ता. 8 ऑगस्ट दिसा अवर लेडी ऑफ रोझरी हायस्कूल, दोनापावला हांचे वतीन " बिय तशें भात" तियात्र सादर करपात येतलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/501

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.